शेतकारांनी उत्पन्न वाडोवपा खातीर आधुनिक शेतीचेर भर दिवपाची गरज- मुख्यमंत्री

ता. 13 ऑक्टोबर 2026

शेतकारांनी आपले उत्पन्न वाडोवपा खातीर आधुनिक शेती सयत भाजी लागवड, फुलशेती आनी हळद लागवड सारख्या शेतीचेर भर दिवपाची गरज आसा, अशें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज वाळपय हांगा नवीन बांदलेल्या विभागीय कृशी कार्यालयाचे उक्तावण केले उपरांत उलयतना सांगलें.

कृशी संचालनालयान 2.70 कोटी रुपया खर्च करून वाळपय हांगा नवीन विभागीय कृशी कार्यालय उभारला. ह्या विभागीय कृशी कार्यालयाक लागून वाळपय भागांतल्या शेतकारांक कृशी येवजण्यो, तांत्रिक मार्गदर्शन आनी हेर सरकारी सुविधांचो लाव घेवपाक मजत जातली.

ह्या वेळार मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी शेतकारांक कृशी येवजण्यो आनी हेर सुविधांचो लाव घेवपा खातीर कृशी कार्डांचे वितरण केले.

फुडें उलयतना मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सरकारान शेतकरी वर्गाचे कल्याण आनी कृशी विकासा खातीर अंमलबजावणी केल्ल्या येवजण्यांचो आनी सुविधांचो नियाळ घेतलो. शेतकारांच्या उत्पादनांक आधारभूत किंमत, कृशी साधनां खरेदी करपाक अनुदान, कृशी कार्ड, माती परिक्षण कार्ड, सामुदायिक शेती आनी हेर उपक्रमांची म्हायती दितना स्वयंपूर्ण गोंय मिशना खाला शेती लागवडीत विविधता हाडपाची गरज उक्तायली. शेती मळार आधुनिकता हाडपा खातीर जैवविविधता केंद्रां आनी शाश्वत शेती पद्धतींच्या म्हत्वाचेरय तांणी भर दिलो.

आमदार डॉ. देविया राणे हांणी विभागीय कृशी कार्यालयाच्या सहकार्यान सत्तरी तशेंच वाळपय वाठारांत अंमलबजावणी केल्ल्या उपक्रमांची म्हायती दिली. शेतकारांक काजूची कलमां, लिंबाची रोपां, आंब्याची कलमां, सुपारीची रोपां आनी हेर फळझाडांच्या रोपांचे वितरण केल्ल्याचे सांगलें. तशेंच शेतकारांक पामतेल लागवड, म्होवांमूस पाळप, माती परीक्षण आनी मातीचे नमुने घेवपाचे प्रशिक्षण दिल्ल्याचे सांगलें.

ह्या कार्यक्रमाक कृशी सचीव श्री निखिल देसाय, कृशी संचालक श्री चंद्रहास देसाय; जिल्हा पंचायत सदस्य श्री नामदेव, पंचायत सदस्य श्रीमती प्रतिभा नाईक आनी हेर सरपंच , पंच सदस्य, शेतकांर उपस्थित आशिल्लें.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/643

--

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.